**जुन म्हयन्या खातीर रेशन कोटा**

ता. 07 मे 2020

फुडल्या जुन म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ दितले. अन्नपुर्णा कार्डधारकांक 10 किलो तांदुळ फुकट दितले. कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वितरीत करतले. त्याच प्रमाण प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान 5 किलो तांदुळ दितले. एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान 8 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 4 किलो गंव दितले.

सवाय धान्य दुकानदारांनी 29 मे 2020 मेरेन आपलो धान्य कोटा उचलून कार्डधारकांक वितरीत करचो. धान्य कोटा उचलपाक मुजत वाड मेळची ना.

रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/234

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA